वि . वि . म
रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमीक विद्यालय
कोंब मडगांव गोंय

# Preliminary Exam December 2025

विशयः कोंकणी

यत्ताः बारावी | वेळः ३ वरां
तारीखः १६|१२|२०२४ | गूणः ८०

---

सुचवण्योः

1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
2. प्रस्नांचें आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
3. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .
4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.
5. प्रस्न क्रमांक 6,7,8,9,10,11,15आनी 27 हया प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग अ (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

1. अब्दुल कलामाच्या आवय बापायन ताचेर कसले संस्कार केले? 1
2. कारवार शार म्हणचे परस गांव म्हणल्यार चड सोबता अशें लेखक कित्याक म्हणटा? 1

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

3. बांयचेर कावळो रडून गेला 2
आंगणांतुल्या ........
फुलां शिंवरून ........ केला.

(गुलाबान ,पार्दिकान,शिताडो , पसर )

4. मतिंत मृदंगा ........आंगा 2
हंसाळ ....... उतरा उतरा

(चांफी ,मोगरी , फुलपाखो , भोंवर )

5. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परतून बरयात :

| | क | ख | |
|---|---|---|---|
| (i) | जाण्टे आमकां देवासमान | श्री. उदय भेंब्रे | 1 |
| (ii) | स्रम महात्म्य | श्रीमती सुमन सामंत | 1 |
| (iii) | शिश्टाय | डॉ. तानाजी हळर्णकार | 1 |
| | | डॉ. हरिश्चंद्र नागवेकार | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 5 ते 6 वाक्यांनी बरयातः

6. 'गोमटें गोंय संगिताच्या निजान निर्मितल्यांक होरायता' ही कवी शंकर भांडारीची कल्पना तुमच्या उतरांनी स्पश्ट करात 3

वा

'एक हावेस' हे कवितेंत कवी तुमची काणी तुमीच नकळो अशें कित्याक म्हणटा ?

7. झाडांची मुळां आनी मनशाची मुळां हांचे नातें कवीन कशें तरेन सुचीत केला? 3

वा

कवीन होळये रातीचें वर्णन खंयच्या उतरांनी केला?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो 6 ते 7 वाक्यांनी बरयातः

8. फाटल्या चारशें छत्तीस वर्साच्या काळांत गोंयकारांनी असलो मनीस पळोवंकूच नाशिल्लो, अशें लेखक कित्याक म्हणटा ? 4

वा

"सैमाकडेन इश्टागत केल्यारूच आमी जिवी उरतली" हे पाठाच्या आदारान स्पश्ट करात .

9. जाण्टयांक घरच्या मनशांनी बरे तरेन वागोवप,हें भुरग्यांचेर बरे संस्कार जावपाचे दृश्टीन खूब म्हत्वाचे आसा अशें लेखक कित्याक म्हणटा? 4

वा

आयच्या काळांत व्यवसायिक शिक्षणाचे म्हत्व तुमच्या उतरांनी मांडात.

सकयल दिल्ल्या पद्यांशांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात 4

10. करियमणी बांदीना भांगार शिंगार घालीना
आमच्या व्होरा मुखल्यानगो रसमागाडी वेचीना
म्हजें तुजें लगीन घडूं मोगरे कळयांत

वा

म्हज्या घरामुखार झाडां
झाडार साबार सवणीं
रान्नीपोलांत कुयणी
रानांत रोयणी .

सकयल दिल्ल्या विधानांचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. 5

11. 'मामा, बांयकडचे तोरंगीक तोरंगां जाल्यांत? बरी गोड तोरंगां न्हंय मामा. आई भोव याद काडटा तेची.'

वा

'नाका काके ,तूं तोडूं नाका ,तुका कांटे तोंपतले,हुमले खातले. हांव तुका तोडून दितां.'

## विभाग ब (व्याकरण )

सकयल दिल्लीं _वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

12 . आतां जत्रापेठ पयली वरी उरल्या तर?. (न्हयकारी करात) 1

13. विंगड विंगड रंगाचे बावटे थंय लायतात. ( प्रस्नार्थी करात ) 1

14 . हया कामाखातीर म्हज्या (भाव ) निवड जाताली .
(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात ) 1

15. संवसारांत जायते वेवसाय आशिल्ले . (वर्तमानकाळांत करात) 1

वा

केन्ना फुटी कडी करशी ? (आज्ञार्थी करात)

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

16 . विकासाच्या भुरग्यांचें वागप मुखार ताका मारक थरतलें 1

17. पक्षाभशेन म्हजे मन मळबांत उडाण करता. 1

( विहार करप , मातयेभरवण जावप , मौनाक वाचा फोडप , म्हारग पडप )

सकयल दिल्ल्या उतरांचीं उरफाटया अर्थाचीं उतरां बरयात.

18. येवप 1

19. आशा 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

20. पातक 1

21. अभ्यास 1

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

22. हून 1

23. मानव 1

24. व्हड 1

सकयल दिल्ल्या ओपारींचो अर्थ बरयात.

25. देखलें मडें आयले रडें 1

26. वारो येता तशें सूप धरप 1

27. फुडलें जोत तशें फाटलें जोत 1

वा

गरजेवंताक अक्कल आसना

सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातींनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. 4

28. शिंयाळ्या दिसांनी दिपकावणेक भायर सरतकच शीं एकसारके आंगाक _______ . पायांक मारिल्ली शिंयाची शिरशिरी आंगात आंगभर ________ .दांतार दांत ________ .पूण एकदां उदकांत पाय दवरतकच शीं खंयचे खंय _________.

( पळप ,धांवप ,तोपप ,आपटूंवप , बसप ,चडप, )

29. 'रिल्सांचो तरणाटयांचेर जावपी परिणाम' हया विशयाचेर शिक्षक /विद्यार्थी हांची मदीं जाल्लो संवाद सुमार 10 ते 12 वाक्यांनी बरयात. 5

30. बलराम उच्च माध्यमीक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'रानभाजी महोत्सव' कार्यावळीचीं आमंत्रण पत्रिका / आपवणे तयार करात. 5

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

उदेंतेक दोंगरांची रांग ,अस्तंतेक विशाळ दर्या,दक्षिण आनी उत्तर शिमांनी न्हंयों असो चारय वटांनी सैमान वेंगेंत घेतिल्लो गांव घडये संवसारांत एकमेव आसतलो. हे गांव जितलो सैमान गिरेस्त तितलोच लोकवेद आनी संस्कृतीक संचीतान ! कुळागरांची थंडाय,देवदेवतांची सासाय आनी व्यक्तिमत्वांच्या वरांची उंचाय हांगा एकाच सांगातान पळोवंक मेळटा.दक्षिण गोंयच्या शिमेर आशिल्ल्या काणकोण म्हालांतलो गिरेस्त असो पैंगीण म्हजो गांव . वट्ट ३५४६.४ हॅक्टर वाठारांत बशिल्लो हो गांव. लागीं लागीं देड हजार घरां आनी सात हजारा लागीं लोकसंख्या आशिल्लो हो वाठार . हया गांवच्या उदेंतेक रानांनी गच्च भरिल्ली दोंगरांची माळ जाल्यार उत्तरेक तळपण हयो न्हंयो .गालजीबाग आनी तळपण मेरेन वस्तारिल्लो अरबी सागर दक्षिणेक गालजीबाग जाल्यार उत्तरेक तळपण हयो न्हंयो. गालजीबाग आनी तळपण दर्यावेळो संवसारभर फामाद ! गालजिबागची दर्यादेग कांसव संवर्धना खातीर शासनान राखून दवरल्या.तळपणची दर्यादेगय भोवच सुंदर आशिल्ल्यान साबार भोंवडेकारांक तिचें आकर्शण . तळपणां नुस्तेमारी लागसर जावापी न्हंय आनी दर्याचो संगम तर मनाक भूल घालपी . गालजिबाग न्हंय दर्याक वेंगायता ती सुवातय दोळे दिपकावपी .

पैंगीण गांवाक लोकवेदाची व्हड परंपरा लाबल्या . हांगाच्या जाण्टेल्यांनी धालो, फुगडयो, तोणया मेळ ,तालगडी सारख्या लोकनाचांची परंपरा निश्ठेन सांबाळ्ळया .आयचे पिळगेन सबंध भारता वांगडाच कांय राश्ट्रांनी ही लोककला सादर करून तिचें संवर्धन करता खातीर योगदान दिला.

प्रस्नः

31. पैंगीण गांवच्यो मुखेल न्हंयो खंयच्यो ? 1

32. पैंगीण गांवची लोकसंख्या कितली आसा ? 1

33. गालजिबागची दर्यादेग शासनान कित्याखातीर राखून दवरल्या? 1

34. जाण्टेल्यांनी खंयच्या लोकनाचांची परंपरा निश्ठेन सांबाळ्ळया ? 1

35. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . 1

36. रोमा हळर्णकर/रमेश हळर्णकर , घर क्रं.२०१ , शांतीनिकेतन , उसगांव गोंय साकून सकयल जायरातीन दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून तुमी अर्ज करात.

5

| गरज आसा |
| --- |
| समुपदेशक (councellor)<br>शिक्षणीक पात्रतायः बी.एसी पास<br>समुपदेशकाचो कोर्स गरजेचो<br>संगणकाचो कोर्स गरजेचो<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणें एक वर्स<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कः वेवस्थापक ,<br>पी.एम.श्री उच्च माध्यमीक विद्यालय<br>फोणें गोंय. |

37. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार 250 उतरांनी निबंद बरयात. 8

- कृत्रिम बुध्दिमत्ता (AI) तारक कांय मारक ?
- जगांत पेट्रोल सोपले जाल्यार !
- तुमचो आदर्श शिक्षक
- हांव वृध्दाश्रम उलयता

*****************